Panaji national news

7 July 2026 ,6.30pm

100 प्रधानमंत्री

संयुक्त कार्यपंगड यंत्रणे वरवीं आतंकवाद आडावपा खातीर भारत आनी इंडोनेशिया वावुरतात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदि हांणी सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज दनपारां जकार्ता हांगा इंडोनेशियन संसदेच्या संयुक्त अधिवेशनांत उलोवप केलें. दोनूय राश्ट्रां मदल्या वाडट्या भागीदारीचेर भर दितना श्री मोदी हांणी सांगलें, भारत आनी इंडोनेशिया हांकां विंगड विंगड वाठारानी सहकार्य खोलायेन वाडोवपाच्यो अफाट संदी आसात. भारत आनी इंडोनेशिया जेन्ना एकठांय उबे रावतात तेन्ना लोकशाय संदी निर्माण करता आनी विस्वास निर्माण करता असो संवसारांतलो विस्वास घट करतात अशें तांणी नदरेक हाडलें. भारताचे 140 कोटी लोक आनी इंडोनेशियाचे 29 कोटी लोक एकठांय येवन वांटून घेतिल्ल्या प्रगतीच्या फाटल्यान मुखार वचतले तेन्ना इतिहास तयार जातलो अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.

110 शिवराज सिंग

केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी आयज वीस हजारां वयर शेतकी उद्देजक आनी 20 लाख शेतकारांक सशक्त करपाचो हेत आशिल्ल्या प्रगति प्रकल्पाची सुरवात केली. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना श्री चौहान हांणी विकसीत भारताची मोख साध्य करपा खातीर शेती, समृध्द गांव, शेतकारांची उदरगत करपाची गरज आसा हाचेर तानी भर दिला. ही मोख साध्य करपा खातीर सरकार सगळे यत्न करता, आनी हेर यंत्रणा ह्या यत्नांत वाटेकर जातकच कामाची गती वाडटय्ल्ली अशें तांणी सांगलें. प्रगति कार्यावळी खाला 26 हजार

ल्हान शेतकी उद्देजकांक प्रशिक्षण दिवपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशें कृशी मंत्री हांणी सांगलें. हे उद्देजक एका गांवा भितर वावुरतात आनी 100-200 शेतकारांक सहकार्य करून गांवच्या शेतकी मळार बदल घडोवन हाडटात अशें तांणी सांगलें.

70 नड्डा

केंद्रीय भलायकी  मंत्री जे. पी. नड्डा हानी आयज कामगार आणि रोजगार मंत्री मनसुख मांडविया आणि संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हांच्या वांगडा 'टीबी मुक्त भारत अभियानाक  अधिक घठमूठ  करपाखातीर  एका उच्यापावडय  वयल्या बसका घेतली . क्षयरोग ना करपा खातीर पुराय सरकारी  पद्दत आपणावपाचो उलो मारून श्री नड्डा हांणी सगळ्या मंत्रालयांक आपले यत्न चड खर करपाक सांगला. क्षयरोग मुक्त भारताचें ध्येय साध्य करपाक तरणाट्यांची म्हत्वाची भुमिका आसा हाचेर  तानी भर दिलो.

सी पी राधाकृष्णनाक

केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी मंत्रालयाच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा आयज उपराष्ट्रपती भवनांत कापूस उत्पादकता मिशनाचेर उपाध्यक्ष सी पी राधाकृष्णनाक म्हायती दिली. भारताची कापूस पर्यावरण यंत्रणा घटमूट करपाचे दिकेन मिशनाच्या समग्र पद्दतीची उपाध्यक्षान तोखणाय केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री राधाकृष्णन हांणी नवनिर्माणाक गती दिवपा खातीर वेळापत्रक मान्यताय यंत्रणेची गरज आसा हाचेर भर दिला

50 आदिवासी वेव्हार

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान आदिवासी उदरगती खातीर गिन्यान, नवनिर्माण आनी पुराव्याचेर आदारिल्लें धोरण तयार करपाचें केंद्र म्हूण आदिवासी संशोधन संस्था (टीआरआय) घटमूट करपाखातीर एक नवो दृष्टीकोन मांडला भुवनेश्वरांत राष्ट्रीय कार्यशाळेचें उक्तावण करतना केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्री जुआल ओराम हांणी आदिवासी दायज सांबाळपा खातीर आनी समावेशी वाड वाडोवपा खातीर देशी गिन्यानाचें आधुनीक तंत्रगिन्याना वांगडा एकठांय करपाचो उलो मारला.

एक देश, एक वेचणूक

संविधान विधेयक, 2024 आणि केंद्रशासित प्रदेश कायदे (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 ची पडताळणी करपी एकवटीत संसदीय समिती 10 आणि 11 जुलैक गोयांत दोन दिवसांचो अभ्यास दौरा करतली. एक देश, एक वेचणूक अर्थात देशात एकाच वेळर वेच्णुको घेवपाच्या प्रस्तावाचेर देशभरात सुरू आशिल्या सल्लामसलतीचो हो एक भाग आसा.खासदार पी. पी. चौधरी यांच्या अध्यक्षतेखाला ही समिती गोयच्या वेगवेगळया घटकांकडेन संवाद साधतले..

70 खेळ

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी नवी दिल्लीत 'दुरंड कप २०२६' सर्तीच्या ट्रॉफींचे अनावरण केले. पाचवो बावटो दाखोवन सर्तीचो शुभारंभ केलो . हया वेळार ड्युरंड कप, प्रेसिडेंट कप आनी शिमला ट्रॉफी खातीर नवे पंगड सर्त करतले अशें राष्ट्रपती हांणी मेळाव्याक संबोधीत करतना सांगलें. अंदूच्या सर्तींत श्रीलंकेच्या पंगडान वांटो घेतिल्ल्यान खोशी उक्तायतना नव्या पंगडांचो आस्पाव केल्ल्यान इतिहासीक सर्त आनीक लोकप्रिय जातली अशें तानी सांगलें.राष्ट्रपती मुर्मू हाणी सर्तींत वांटो घेवपी सगल्या पंगडांक आनी खेळगड्यांक शुभेच्छा दिल्यो .

हवामान

पुढले  २-३ दिवसांत मोसमी वारे उत्तर अरबी समुद्राच्या उर्वरित वाठरांत, म्हणजेच राजस्थान, हरियाणा आणि पंजाबांत, प्रवेश करपाक अनुकूल परिस्थिती आसा. असो अजमास भारतीय हवामान विभागान  उक्तायला.